Panaji Regional 14th June 2025 7.25am

Rashmi – 165

शेतकी आनी प्रक्रिया केल्लीं अन्न उत्पादनां निर्यात उदरगत प्राधिकरण आनी जैविक भारत वरवी गोंयच्या शेतकी पिकावळीची निर्यात कशा पद्धतीन करू येता हे वीशी नियाळ घेवपी खासा बसका मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शुक्रारा पर्वरे मंत्रालयात घेतली.

प्राकृतीक शेतीच्या पिकावळीक जागतीक मळार मार्केट मेळोवन दीवपाक वेगवेगळ्या शेतकी कार्यावळीनी गोंय राज्यान वाटो घेवप, शेतकी आनी प्रक्रिया केल्लीं अन्न उत्पादनां निर्यात उदरगत प्राधिकरण वरवी 18 शेतकी पिकावळींची वर्गवारी, गोंयच्या शेतांक प्राकृतीक शेतीखातीर सेंद्रीय उत्पादना खातीरच्या राष्ट्रीय कार्यावळ वरवी certification दीवप, हे वीशी ह्या बसकेत चर्चा जाली.

त्या खेरीज गोंयात काजु बोर्ड स्थापन करपावीशी लेगीत चर्चा जाली.

गोंय हे प्राकृतीक शेती करपाक महत्व दीवपी राज्य. हे फांटभुयेर गोयच्या शेतकी मळाक उर्बा दीवपाक गोंय सरकार सदाच महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार म्हळा.गोंयच्या शेतकारांच्या पीकावळीक जागतीक स्तरार मार्केट मेळोवन दीवपाच्या नदरेतल्यान सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यानि सांगला.

ह्या बसकेक शेतकी मंत्री रवी नायक,फलोत्पादन म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रेमेंद्र शेट,रान म्हामंडळाच्यो अध्यक्षा देवीया राणे, मुख्य सचीव वी. कान्दांवेलु, शेतकी खात्याचे सचीव अरूण कुमार,शेतकी खात्याचे अधिकारी, तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

ओला आनी उबेर -120

ओला आनी उबेर सारके भायले कॅब एग्रीगेटर गोंयांत येवचे नात अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी काल स्पश्ट केलें. नवी मार्गदर्शक तत्वां फकत राज्यांतल्या येरादारी जाळवणदारांक लागू जातात आनी भायल्या वेवसायिकांक गोंयच्या येरादारी मळार येवपाक दिवचे नात अशें आश्वासन मुखेलमंत्र्यानि दिलें. आमदार मायकल लोबो, जित आरोलकार, आनी टॅक्सी ऑपरेटरां बरोबर जाल्ल्या बसके उपरांत मुखेलमंत्र्यानि ही म्हायती दिल्या. लोकांची दिशाभुल जावंक फावना. आमी ही वेवस्था जाग्यार घालपाक सोदतात अशें मुखेलमंतत्र्यान म्हळा.टॅक्सी संचालक,

हॉटेल मालक, आमदार सयत सगळ्या भागधारकांक  विस्वासांत घेवन हो प्रस्न सुटावो जातलो अशें सावंत हांणी सांगलें. सरकारान 20 मायाक जाहीर केल्ल्या टॅक्सी ॲग्रीगेटर एॅपाच्या मार्गदर्शक तत्वांच्या मसुद्याक टॅक्सी संचालकांनी खर विरोध केला, ह्या नेमाप्रमाण  बिगर गोंयकारांक  येरादारी वेवसाय येवपाक  संद मेळटली असो भंय टॅक्सी वेवसायिकांनी व्यक्त केल्लो.

STP – 110

राज्यभरांतल्या णव सीवरेज  ट्रीटमेंट प्लांटांतल्यान (एसटीपी) शुध्द केल्लें सांड उदक आतां बिगर पिवपाच्या वापरा खातीर फुकट उपलब्ध आसा अशें  गटार आनी मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळान जाहीर केलां. ही सुविधा सामान्य लोकांक, वेपारी आस्थापनांक, हॉटेलां, रिसॉर्ट्स, उद्देगधंदे आनी बांदकाम कार्यावळीं खातीर उक्ती आसा. शुध्द उदक दिवपी एसटीपी कालंगूटे-बागा, पणजे पाट्ट्यार , सांखळे, शिरदांव मडगांवा, काटे-बायणा वास्को,दुरभाट ,कोलवा आनी फोंड्या कवळ्या हांगा उपलब्ध आसात. हें उदक शेती, बागकाम, भौशीक उद्यानांक शिपपाक  वापरूं येता. एसटीपी लागसार आशिल्ल्या हॉटेलांच्या गार्डनांक तशेंच फुटपाथ धुवपाक ह्या उदकाचो उपेग करु येता अशे म्हामंडळान कळीत केला.  तशेंच कार्यकारी एसटीपीच्या प्राकल्पाकडल्यान 15 किलो मीटर अंतराच्या वाठारात आशिल्लया बांदकामांखातीर  हे उदक  वापरपा योग्य आसा अशे म्हामंडळान कळीत केला.

DIP – 55

रानां हक्क कायदो २००६ चे तजवीजे खाला केल्ले प्रलंबीत दावे फास्ट ट्रॅक पद्धतीन निकालांत काडपा खातीर दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान प्रकल्प अधिकारा खाला आज  काणकोण, धारबांदोड्यां, केपें, सांगें आनी फोंडें म्हालांत म्हाल पांवड्यार शिबीरां आयोजीत केल्यांत.

उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, गट विकास अधिकारी, जोड मामलेदार, ग्रामपंचायत सचीव, आदिवासी कल्याण संचालनालय आनी रानां खात्याच्या समन्वयान हीं शिबीरां आयोजीत केल्यांत.

Weather – 35

कोंकण, गोंय, कर्नाटक, केरळ आनी तमिळनाडूच्या कांय वाठारांनी दाट उटनगाराचो अदमास भारतीय हवामान खात्यानं उक्तायला. गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या

आदामासा प्रमाण गोयांत आज चडान चड तापमान 28 degrees celcius आनी उण्यांत उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

FIH – 100

एफआयएच हॉकी प्रो लीगांत आयज भारतीय दादले आनी बायलांचो पंगड खेळटलो. भारतीय दादल्यांचो पंगड बेल्जियममांतल्या अँटवर्पांत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 2 वरांचेर सुरू जातली. 12 मॅचींनी 15 भारतीय पंगड गुणतालिकेत पांचव्या सुवातेर आसा.
जाल्यार, बायलांचो हॉकी पंगड लीगच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या पावडयात सुरवात करपाचो आसा, युरोपीय लीगांत ऑस्ट्रेलिया, आर्जेन्टिना, बेल्जियम आनी चीन हांचे आड खेळटलो. भारतीय बायलांचो पंगड लंडनांत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 5:30 वरांचेर सुरू जातली. हाचे उपरांत भारतीय पंगड 21 आनी 22 जून दिसा अँटवर्पांत बेल्जियम आड आनी 28 आनी 29 जून दिसा बर्लिनांत चीना आड खेळटलो.